मुख्यमंत्र्या कडल्यान “एम-स्ट्रिप्स” (MSTrIPES) ॲप आनी गोंयच्या पक्ष्याचेर लघू चित्रपटांचे अनावरण

जून 5, 2020

ज्येश्ठ 15, 1941

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आज “एम-स्ट्रिप्स” (MSTrIPES) मोबायल ॲप आनी गोंयच्या पक्ष्याचेर रान खात्यान तयार केल्ल्या लघू चित्रपटांचे अनावरण केले.

मुख्यमंत्र्यान वेब कॉन्फरन्सा वरवीं 60 रान रक्षकां कडेन संवाद साधलो. वागा खातीर देखरेख यंत्रणा- तीव्र संरक्षण आनी पर्यावरणीय स्थिती (एम-स्ट्रीप्स) ही भारत सरकाराच्या वाग संवर्धन प्राधिकारी वरवीं भारतीय वाग प्रकल्पांतली जाहीरपणान आरंभ केल्ली सॉफ्टवेअराचेर आदारीत देखरेख प्रणाली जावन आसा. रान सचीव श्री. पुनीत कुमार, आयएएस, प्रधान मुख्य रान संरक्षक (पीसीसीऍफ) श्री. सुभाष चंद्र, आयएफएस अतिरिक्त प्रधान मुख्य रान संरक्षक श्री. सतोष कुमार, आयएफएस आनी उप-संवर्धक (उत्तर) श्री. ए. जॅबास्तीन, आयएफएस उप- संवर्धक (मुख्यालय) श्री. ऍन. पाळणीकांत आनी आयएफएस पारखणीकाळीन (प्रोबेशनरी) तेजस्वीनी पुसुलुरी ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान उलयतना, पर्यावरणाचे संरक्षण आनी संवर्धना खातीर गोंयच्या सगळ्या नागरिकांनी आनी रान खात्याच्या आघाडीच्या कर्मचार्यांनी हातभार लावचो अशें आव्हान केले. “मातृ निर्सगाचे रक्षण करप हे आमचे मूलभूत कर्तव्य आसा त्या खातीर प्रत्येक व्यक्तीन जापसालदारकीन वागूंक जाय” अशें तांणी सांगले. हांचे मुखार खात्यान बारीक लक्ष दवरून सर्मपणान काम करप आनी तांका आंखून दिल्ल्या भागांत गस्त घालप गरजेचे आसा अशे तांणी सांगले.

केंद्रीय योजने अंतर्गत राज्यांतल्या 60 रान रक्षकांक मोबायल दिल्याची म्हायती पीसीसीएफ श्री. चंद्रा हांणी ह्या वेळार दिली. तांणी तांच्या मोबायलांचेर एम-स्ट्रीप्स ॲप डावनलोड केला. हो एक केंद्र शासीत ॲप जावन आसा आनी कर्नाटकांत हांचे पयलीच ह्या ॲपाचो उपेग करतात. आयच्यान तांचो उपेग गोंयांतय जातलो. संरक्षकांक तांचे कर्तव्य करतना वाग आनी हेर वन्य प्राण्याचो सोद घेवपाक मदत जातली. पांच मिनटांच्या कालावधीच्या ह्या लघू चित्रपटांतल्यान गोंय राज्यातले निसर्गरम्य सौंदर्य, जैवविविधता आनी पक्षी संस्कृती दाखोवपी खास शुटींग आसा. दोन मिनीटांची क्लिप सोशल मिडियाचेर प्रसारीत करतले अशें तांणी सांगले.

डीआय/एनबी/जेए/जेएस/2020/60

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA